250 आतां कागाळीं खातीर पुलीस स्टेशनांत वचपाची गरज ना

नवी भारतीय न्यायवेवस्था संहिता १ जुलय सावन लागू लाग/जाली. जाली. देखून कागाळी सावन गुन्यांवांच्या कलमां मेरेन जायते बदल जल्ल्यात तुमकां दिसतले. हातूंतलो एक बदल म्हळ्यार व्हॉट्सऍपाचेर whatsapp. कागाळी. कागाळी/ आदीं आदी गुन्यांव कळोवपाचो आसल्यार पुलीस स्टेशनांत वचपा बंगर पर्याय नाशिल्लो, पूण आतां तशें ना/ भारतीय नागरी सुरक्षा संहितेंत एक नवी तजवीज केल्या देखून आतां सरळ पुलीस स्टेशनात वचपाची गरज ना पूण व्हॉट्सऍपा ना वरवीय है काम करपाक मेळटा एकादी कागाळ करपाक जाय कटाए पूण शिक्षण / नोकरी / वेवसाय / वा हेर जापसालदारक्यो आनी परिस्थितीक लागून प्रत्यक्षात पुलीस स्टेशनांत वचपाक मेळना अश्यो जायत्यो परिस्थिती येतात/प्रूण भारतीय नागरी सुरक्षा संहितेंत तरतुदी केल्यात/आनी कागाळीचे हेर मार्ग उक्ते केल्यात, भारतीय नागरी सुरक्षा संहितेच्या कलम ५३० प्रमाण सगल्या प्रकरणांची कार्यवार्य व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांतल्यान / परिशदेवरवी करपाची तरतूद केल्या. देखून व्हॉट्सऍप, ईमेल वरवी कागाळ करपाक मेळटली पूर्ण, फुडल्या ७२ वरा भितर पुलीस स्टेशनांत

वचून कागाळीचेर सय करची पडटली नव्या तरतुदी खटल्यांचे काम वेगान जातलें. दोनूय वटांनी वकील, साक्षीदार आपल्या आपल्या सुवातेर सावन आनी आरोपी बंदखणीतल्यान न्यायालयीन कार्यवाहींत हाजीर रावपाक शकतले. गवाय, उलटसुलट चवकशी वाद बेगीन पुराय जातले आनी न्यायालयांक वेळार निर्णय दिवपाक मेळटलो आरोपींक बंदखणींतल्यान न्यायालयांत हाड- व्हर करतना पुलिसांचें मनीसबळ फुकट वतालें. तशेंच तांचो कामाचो वेळ फुकट वतालो. मात नव्या तरतुदीं प्रमाण आरोपीक न्यायालयांत हाजीर करपाची गरज आसची ना. आतां उण्यांत उणो मनीसबळ खर्चाचेर भर दितले/आतां तले/अ Sumunse सावन आरोपीक समन्स जारी केल्या उपरांत पुलिसांक वयक्तीक रितीन समन्स दिवपा खातीर आरोपीच्या घरा वचपाची गरज पडची ना अशी तरतूद नव्या कलमांत आसा आरोपीक ताच्या सोशल मिडिया वरवीं धाडिल्ले / समन्सूय अधिकृत धरतले. ताका लागून आरोपी, फिर्यादी, साक्षीदार /पंच हांच्या मोबायल क्रमांकां

(सयत ई-मेल /व्हॉट्सऍप / क्रमांक, हेर खात्यांचे तपशील पुलिसांक सेव करचे पडटले.

सूत्रसंचालन कार्यशाळा : 90

गोवा मराठी अकादमी फोंडा विभागान हायस्कुलांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर आनी आकांक्षी मराठी भास मोगीं खातीर एक दीस "सूत्रसंचानाल कार्यशाळा" घडोवन हाडल्या. ही कार्यशाळा आयतारा 7 जुलय 2024 सकाळी 9 ते सांजे 5 मेरेन, विद्या वृद्धी हायस्कुल सभाघर, शांतिनगर,गा जानली फोंडा गोंयच्या सांताक्रूझ हांगा जातली, वरिश्ठ शिक्षक, कलाकार आनी सह-संचालक उमेश गावणेकर हे कार्यशाळेचे संचालक आसतले.

आनी नामनेची निवेदिका प्रा संगीता अभ्यांकर उक्तावण सुवाळ्याची उद्घाटक म्हणून हाजीर आसतली. तशेंच निमाणे सत्रात/आयएमबीचे अध्यक्ष दशरथ परब आनी वॉर्ड अध्यक्ष निलेश नायक हाजीर आसतले अशी म्हायती फोंडा वॉर्ड सचीव वर्दा गाड कैरकार हांणी दिल्या

'अंत्रूज वनमहोत्सव' : 180

'अंत्रूज, वनमहोत्सव 2024/ सिद्धनाथ पर्वत वाठार आनी बोरी शिरशिरे हांगाच्या दोंगरा कडेन जातलो शिरशिरे हांगाच्या दोंगुल्लेचेर शेनवारा G जुलयाक सकाळी 9 ते 11 मेरेन वेगवेगळ्या झाडाची रोपा लायतले. ह्या रान मोहिमेंत NGO/ वेगवेगळ्ळी शाळा, म्हाविद्यालयां, एनजीओ, कला, सांस्कृतीक आनी आध्यात्मिक संघटना वांटो घेतत्य फाटल्या तीन वर्सा सावन फोंड्याच्या ह्या कार्यावळीक वाडत वचपी प्रतिसाद मेळटा./ चडान चह दर वर्सा एका पंचायत वाठारांत सामुहीक झाडां रोवपा खातीर फावो ती सुवात दिवपाची कार्यावळ रान खात्याच्या सहकार्यान येसस्वीपणान/चालू आसा. आडपई गावं। उपरांत दुर्भाट बांदोडा आणि अंदं वर्सा बोरीतल्या ह्या कार्यावळी खातीर 25 संघटनांचे 500 प्रतिनिधींनी नोंदणी केल्या/वनमहोत्सवा उपरांत सिध्दनाथ दोंगराचेर आशिल्ल्या भस्मा दोंगराच्या वाठारांतल्या इत्सूक सैम मोगीं खातीर आयोजकांनी ट्रेकिंग कार्यावळ

आंखल्या. मर्दगड अभियानाचे अध्यक्ष पत्रकार निलेश नायक हे ह्या उपक्रमाचे संयोजक आसात. ह्या रान महोत्सवाचौ समन्वयक ज्येश्ठ पर्यावरणवादी अभय केसरकार, अध्यक्ष बोरी ग्राम पंचायतीचे सरपंच सतीश नायक बोरकर / आनी सुदेश बोरकार सचीव जावन आसात बोरी पंचायत आनी बोरी बीएमसी ह्या वर्सा रान खात्याच्या सहकार्यान आणि जोडपालवान हो रान महोत्सव घडोवन हाडटात. वादेकार जावपी पर्यावरण मोगीनी सकाळी सह आठ 8.30 वरांचेर बोरीच्या स्वामी विवेकानंद वाणिज्य महाविद्यालयांत जमून रान खात्यान दिल्ले रोपडे दोंगरार क्यल्यान रोवचे अशें आयोजकांनी कळीत केला.

185 DIP

गोंय राज्य गिरायक हक्क आयोग हायब्रिड मोड पद्दतीन सुनावणी घेतले गोंय राज्य गिरायक आयोग 8 जुलय 2024 जुन्ता हाऊस, पणजी हांगाच्या गाँय 1/ सावन राज्य गिरायक सुनावणी आयोगाच्या कचेरीत हायब्रीड मोड / पद्दतीन (फिजिकल/व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंग) आयोजीत करतलो वकील आयोजीत करतबो आनी पक्षकारांनी WWW.CONFONET.NIC.IN चेर आपल्या केसीची तारीख आनी वेळ पळोवन VC/हायब्रिड सुनावणीक हजर रावचे. राज्य आयोगा सामकार /VC वरवीं सुनावणीक हजर रावप्यांनी न्यायालयाक लागू आशिल्ल्या सगळ्यां सभ्य / चलणूकांक आनी प्रोटोकॉलाक / पाळो दिवपाक जाय. जो मेरेन तांकां तांचे सबमिशन करपाक आपयना तो मेरेन तांणी आपलो मायक्रोफोन म्यूट दवरचो, मोबायल फोन सायलेंट/स्विच ऑफ विमान मोडाचेर दवरचों. VC सुनावणी वेळार कसलीय आडमेळ / हाडपाचे टाळचे. सबमिशन करपाचे निर्देश दिल्या उपरांत निर्देश/ फकत वरिश्ट अधिवक्ता/अधिवक्ता वा स्वतां उपस्थित रावपी व्यक्तींनी मायक्रोफोन / "चालू" मोडात दवरचो हेर व्यक्तींनी आपले मायक्रोफोन म्यूटु करचे/ तशेंच क्रॉस-टॉक वा क्रॉस सबमिशन सदाच टाळचे. व्हीसी सुनावणी सुरू जावचे पयली सगळे वकील आनी पक्षकारांनी आपली उपस्थिती VC सुनावणीच्या चॅट बॉक्सात दिल्ल्या फॉरमॅटात नोंद करपाक जाय.

केपे पालिका : 100

केपे पालिकेचो /नवो नगराध्यक्ष वैचपाखातीर अर्ज दाखल करपाच्या निमाण्या दिसा एकूच/अर्ज आयिल्ल्यान दीपाली नायक बिनविरोध वैंचून आयल्यात. फाल्यां प तारखेक नगराध्यक्षाची वैचणूक करपा खातीर खाशेली बसका आपयल्या आनी ही घोशणा अधिकृतपणान हे बसकेंत जातली./ आदली नगराध्यक्ष सुचिता शिरवयकार/हांणी राजिनामो दिल्ल्यान/ हें पद रितें जाल्ले, केपे पालिकेचें नगराध्यक्षपद बायलां खातीर राखून दवरलां/ आनी फाल्यां खाशेली बसका आपयल्या उल्लेख केल्लें पद रितें आशिल्ल्यान/काल आनी आयज नगराध्यक्ष आयज शल्लो/ पदाखातीर/अर्ज भरपाचो निमाणो दीस आशिल्लो / काल दीपाली नायक आनी नंदिता प्रभुदेसाय हांणी 2 तारखेक अर्ज सादर केले/पूण आयज नंदिता प्रभुदेसायन/आपलो अर्ज फाटीं घेतिल्ल्यान/ दीपाली नायक विरोधा विरयत वेंचून आयल्यो आनी एकमेव उमेदवार भारल्यो.